**मुक्ती दीस वर्स सुवाळ्याखातीर सरकारान सुचोवण्यो मागयल्या**

ता. 1 जानेवारी 2021

गोंय मुक्तीच्या 60व्या वर्सानिमतान वर्सभर वेगवेगळे कार्यक्रम आयोजीत करपाखातीर सरकारान लोकांकडल्यान सुचोवण्यो आनी कल्पना मागयल्यात. सरकारान राज्यांत आनी देशाच्या हेर वाठारांत 19 डिसेंबर 2020 ते 19 डिसेंबर 2021 मेरेन वेगवेगळ्या कार्यक्रमांचे आयोजन करून गोंय मुक्तीचे 60वे वर्स दबाजान मनोवपाचो निर्णय घेतला.

लोकांनी आपल्यो सुचोवण्यो 20 जानेवारी 2021 सांजेच्या 5.30 वरांमेरेन goaliberation60@gmail.com ह्या ईमेलाचेर धाडच्यो. गोंयची कला, संस्कृती, खाणांजेवणां आनी राज्यांच्या फाटल्या 60 वर्साच्या वाटचालीचे प्रदर्शन घडोवपाच्या उद्देशान वेगवेगळ्या सर्तीसयत कार्यक्रमांचे वर्सभर आयोजन करपात येतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/07

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji